# <u>आयुर्वेदीक उपचारांचो लाव घेवपाक आंतरराष्ट्रीय पर्यटक भारतांत येतातः भलायकी मंत्री</u>

पणजी, ४ सप्टेंबर २०१८
भाद्रपद १३,१९४०

आयुर्वेदीक उपचारांचो लाव घेवपाक आंतरराष्ट्रीय पर्यटक भारतांत येतात अशें भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणे काल रविंद्र भवन सांखळी हांगा मातृभुमी सेवा प्रतिश्ठान गोंय, डॉ. मनोज शर्मा आयुर्वेदीक न्युरो हॉस्पीटल आनी रिसर्च सेंटर, संत सोहिरोबानाथ आंबिये सरकारी कला आनी वाणिज्य महाविद्यालय, पेडणे, दीनदयाळ सेवा प्रतिश्ठान, दिवचल, हरमल पंचक्रोशी शिक्षण मंडळ, लोकमान्य गणेशोत्सव विश्वस्त मंडळ, पेडणें, फलोत्पादन संचालनालय, भलायकी सेवा संचालनालय (आयुश विभाग) आनी साण्डू फार्मासुटीकल लिमीटेड हांच्या जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या पांच दिसांच्या फुकट मेगा आयुर्वेदीक न्युरो थेरपी वैजकी शिबिराचें उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें.

मुखार उलयतना श्री. राणे हांणी म्हणलें की जीं दुयेंसां आयुर्वेदीक उपचारान बरी जातात ती एलोपॅथीक उपचारान बरी जायनात. शिबिरांत उपलब्ध आशिल्ल्या उपचाराचो लोकांनी पुराय पणान लाव घेवचो. आयुश्य मंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी धारगळ हांगासर नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ आयुर्वेदा आनी नॅच्युरॉपॅथी तशेंच सांखळे आनी मडगांव हांगा आयुर्वेदा आनी नॅच्युरॉपॅथीची दोन हॉस्पिटलां स्थापन करपाखातीर प्रयत्न सुरू केल्ल्या बद्दल तांची तोखणाय केली.

ह्या सुवाळ्याक गोंय विधानसभेचे सभापती डॉ. प्रमोद सावंत हाजीर आसले, तांणी आपल्या उलोवपांत सांगलें निरोगी, शांतीमय आनी समृध्द जीण जगपाखातीर मनशाची भलायकी संपत्ती इतलीच म्हत्वाची आसा. दिवचल आनी सत्तरी तालुक्यांत लोकांक आयुर्वेदीक उपचाराचो लाव घेवंक फुडल्या दोन ते तीन म्हयन्यां भितर वेळगे हांगा आयुश्य केंद्राची पायाभरणी घालपाचे कळीत केले. मुखार तांणी लोकां कडेन तांका जाल्ल्या दुयेसां खातीर उपचार घेवन पांचूय दिसांच्या शिबिराचो लाव घेवपाची विनवणी केली.

उत्तर गोंय जिल्लो परिशद अध्यक्ष श्रीमती अंकिता नावेलकर, सांखळी नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री. धर्मेश सगलानी, दीन दयाळ सेवा प्रतिश्ठानाचे अध्यक्ष श्री. वल्लभ साळकार, गोंय मातृभुमी सेवा प्रतिश्ठानाचे सरचिटणीस श्री. सुरज नायक, आयुश्य विभागाचे जोड संचालक डॉ. दत्ता भट, साण्डू फार्मासुटीकल लिमीटेडचे संचालक श्री. उमेश साण्डू हाजीर आसले.

श्रीमती स्वाती मायणकर हांणीं सुत्रसंचालन केले जाल्यार डॉ. संदिप सावंत हांणी उपकाराचें उलोवप केलें.

**मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/माधा/मपा/२०१८/१४९८**